Akashwani Panaji National news 8.40 am 18th feb 2026

Pm 149

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  आपल्या बांगलादेशी समकक्ष तारिक रहमानाक आपल्या कुटुंबासयत भारताचा भेटेर  आपोवनणे  दिला . प्रधानमंत्री मोदी हांणी रहमानाक बरयल्ल्या पत्रांत दोनूय राश्ट्रां मदले बहुआयामी द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपा खातीर BNP फुडाऱ्या वांगडा काम करपाची उमेद उक्तायल्या. भारत आनी बांगलादेश हांचे मदीं वांटून घेतिल्ल्या इतिहासाचेर, संस्कृतीक संबंदांचेर आनी लोकांच्या शांतताय आनी समृध्दीच्या आकांक्षांचेर  इश्टागत आसा अशें प्रधानमंत्री  मोदी हांणी सांगलें. आमच्या उदरगतीच्या प्राधान्यां मदलो घटमूट अभिसरण आमच्या फुडाराच्या सहकार्या खातीर मार्गदर्शक तत्व म्हणून काम करतलें अशें तांणी सांगलें. रहमानाक वेंचणुकेंतल्या जैताक परबीं दितना प्रधानमंत्री मोदी हाणी  ह्या जैताचें वर्णन बांगलादेशांतल्या लोकांनी ताच्या फुडारपणाचेर केल्लो विस्वास  अशें म्हणलें. देशाक शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दीच्या दिकेन व्हरपाच्या रहमानाच्या दृश्टीकोनाक भौशीक आधार दिता अशें तांणी सांगलें. जोडणी, वेपार, तंत्रगिन्यान, शिक्षण, कुशळटाय  उदरगत, उर्जा, भलायकी  जतनाय, आनी  लोकां मदीं आदान-प्रदान अशा विंगड विंगड क्षेत्रांनी ढाका वांगडा सहकार्य वाडोवपाची आस्त बाळगिता अशें प्रधानमंत्री हांणी मुखार  सांगलें. प्रादेशिक सहकार घटमूट करपाविशी तांणी भर दिलो.

54 pres

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापट्टणमांत जावपी आंतरराष्ट्रीय Fleet Review IFR 2026 सर्तींत वांटो घेतल्यो . सशस्त्र दळांचे सर्वोच्च सेनापती म्हूण त्यो विधीपुर्वक नियाळ घेतल्यो आनी भारताच्या नौदलाचे बळगें आनी दर्यावेल्या क्षमतांचें अदभूत प्रदर्शन पळयतल्यो . 15 ते 25 फेब्रुवारी मेरेन विशाखापत्तनमांत भारतीय नौदलान IFR आयोजीत करता. राषट्रपती मुर्मू काल सांजवेळा विशाखापट्टणमांत पावल्यो .

Pm french108

भारत आनी फ्रांस हांणी इंडिया फ्रांसाचो संबंद खाशेलो जागतिक रणनिती भागीदारीत वाडोवपाचें मान्य केलां. वट्ट 21 परिणाम जाले.2047 नकासो चालीक लावपाचो नियाळ घेवपा खातीर वर्सुकी विदेश वेव्हार मंत्री संवाद स्थापन करपाक दोनूय वटांनी मान्यताय दिली. तशेंच इंडिया फ्रांस नवनिर्माणाचें वर्स आनी इंडिया फ्रांसनवनिर्माण जाळें सुरू करपा खातीर दोनूय राश्ट्रांनी कबलात केल्या. मुंबयच्या लोकभवनांत फ्रेंच राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे वांगडा संयुक्त निवेदन दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी ही भागीदारी फकत रणनितीची न्हय तर आयचे अस्थीर जागतीक परिस्थिती मदीं संवसारीक स्थिरताय आनी समृध्दी खातीरय आसा अशे तन्वी स्पष्ट केलें . भारत आनी फ्रांस हांचे मदि खाशेले संबंद आसात आनी फ्रांस भारताचो एक पोरनो रणनिती भागीदार आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

53 impact

भारत एआय इम्पॅक्ट समिट खातीर नवी दिल्लींत आशिल्ल्या जायत्या जागतीक फुडाऱ्यां कडेन आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी बसका घेतले.प्रधानमंत्री स्पेनचो राष्ट्राध्यक्ष पेद्रू सांचेज, फिनलँडाचे प्रधानमंत्री Antti Petteri Orpo, सर्बियाचे राष्ट्राध्यक्ष Aleksandar Vucic, क्रोएशियाचे प्रधानमंत्री Andrej Plenkovic,, एस्टोनियाचे राष्ट्राध्यक्ष आलार कारिस, भूतानाचे प्रधानमंत्री दाशो त्शेरिंग टोबगे आनी कझाकस्तानाचे प्रधानमंत्री Olzhas Bektenov हांची भेट घेवपाचे आसात

कांत 70

ग्लोबल साउथातल्या नागरिकांचे जीवन बदलपाक एआयची शक्ती वापरू येता अशे नीती आयोगाचे आदले सीईओ अमिताभ कांत हाणी सांगले. नवी दिल्लीत जाल्या इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट २०२६ च्या दुसऱ्या दिसा उल्यताना कांत हाणी म्हणाले की, एआय दळदीर रेशेखाला लोकां मेरेन पावतले हाची खात्री करप आणि शिक्षण आणि पोषण मानका सुधारप गरजेचेआसा. त्यांनी भर दिलो की, भारत अमेरिकेपेक्षा ३३ टक्के चड डेटा प्रदान करता आणि ग्लोबल साउथातल्या डेटाच्या आधारान व्हड भाषा मॉडेल्स बरे जातात. बाइट- अमिताभ कांत

पटेल 60

भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल यांनी भारतातल्या भलायकी सेवेखातीर  एआय स्ट्रॅटेजी (SAHI) लाँच करपाची घोषणा केली. ही एक राष्ट्रीय मार्गदर्शक चौकट आसा जी राज्यां, नियामक आणि खाजगी कार्यक्रमांमदी जबाबदार एआय स्वीकारपाक तेको दिवपाक आसा. नवी दिल्लीत  इनोव्हेशन टू इम्पॅक्ट - एआय अॅज अ पब्लिक हेल्थ गेमचेंजर या राउंडटेबल परिषदेत उपस्थितांकडे उलयताना सुश्री पटेल हाणी म्हणले की, एआय इम्पॅक्ट समिट २०२६ वेळार SAHI उपक्रम सुरू करतले

BYTE - अनुप्रिया पटेल

प्रधान 70

एआय आणि शिक्षण एकमेकांक पूरक आसात अशे AI समीटात उलयताना केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी म्हळे.भारतात एआयची सीमा वाडोवपाविशी उलयताना प्रधान हाणी म्हणाले की, सध्या देश ज्ञानकेंद्रित समाज जावपाच्या दिशेन वाटचाल करता. भारतासारख्या बहुआयामी देशात प्रणालीची गुंतागुंत समजून घेवपाक आणि त्याचो वापर भौशिक कल्याणा खातीर करपाक एआय

हे एक महत्त्वाचे साधन आसा, अशे प्रधान यांनी नमूद केले. मंत्र्यांनी तरणाट्यांक तंत्रज्ञानाची सखोल समज विकसित करपाचे आणि फुडारात एआय चालित जागतिक ज्ञान केंद्र करपाचे आवाहन केले.
byte

France 88

फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक बावन्नव्या जी-7 शिखर सभेंत आपोवणे दिला. अंदु 2026 वर्सा ह्या शिखर सभेचे अध्यक्षपद फ्रांस करतले.मुंबयंत दिल्ले पत्रकार निवेदनांत मॅक्रॉन हांणी Evianनांत जावपी जी-7 शिखर सभेच्या आदीं आंतरराष्ट्रीय कार्यसुची कबलात करपा खातीर भारत आनी फ्रांस हांचे मदीं बसका घेवच्यो अशें सांगलां.

Amit assam 113

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह शेनवारा आसामांतल्या गुवाहाटींतल्या सरुसाजाई स्टेडियमांत केंद्रीय राखीव पुलीस दळाच्या सत्त्ययशव्या वर्धापन दिसा जावपी परेडीक मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर रावपाचो आसा. ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण आयतारा डीजी परेडूय जातली. पयलेच खेपे सीआरपीएफ ईशान्येक

आपलो  वर्धापन दीस परेड मनयता, ह्या वाठारा कडेन ताचो  संबंद आनी शांतताय, स्थिरताय आनी राश्ट्रीय सुरक्षा हांची  वचनबद्धताय हाचेर भर दिता.

43 AI

आयज एआय इम्पॅक्ट समिट २०२६ च्या तिसऱ्या दिसा संशोधन परिसंवाद जावपाचें आसा, तातूंत एस्टोनियाचे राष्ट्राध्यक्ष Alar Karis, इलेक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी राज्य मंत्री जितिन प्रसादा हांचे वांगडा हेर मानेस्त लोकां वांगडा चर्चा करतले. कार्यपंगडाचें उक्तावण अधिवेशन आनी सुरवात जावपाची आसा.

51 amit

केंद्रीयघर मंत्री अमित शाह आयज अस्तंत बंगालाचा  दीसभराच्या  भोवंडर आसतले . कोलकाता पावतकच मंत्री शाह श्रील भक्तिसिध्दांत सरस्वती ठाकुर हांच्या 152 जयंती निमतान  नाडियाच्या मायापूर हांगाच्या इस्कॉन मुख्यालयांत पावतले .

Imd 106

भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण , आयज दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उदेंत राजस्थानात गडगड आनी वादळाचो अदमास उक्तायला .

Sports 83

दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट विश्वकरंड सर्तींत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत जाल्ले गट क मॅचींत नेपाळान स्कॉटलंडाक सात विकेटींनी हारयलो.